# लोकशायेत जनता सर्वोच्च आसा- पिल्लई

ता. 23 एप्रिल 2022

लोकशायेत जनता सर्वोच्च आसा आनी देखून गोंयच्या जनतेची सेवा करपाक म्हाका खूप आनंद जाता, अशें राज्यपाल श्री पी एस श्रीधरन पिल्लई हांणी सांगले.

बेतकी खांडोळा हांगा आयोजीत कार्यक्रमात बेतकी खांडोळा, वेरे-वाधुर्मे, वळवय, केरी, तिवरे-वरगांव, भोमा-अडकोण आनी वेंलींग-प्रियोळ ग्रामपंचायतीचे सरपंच आनी पंच वांगड्यांकडेन संवाद साधल्या उपरांत राज्यपाल उलयताले.

ह्या कार्यक्रमात राज्यपालान फोंडे म्हालातल्या वीस डायलिसीस दुयेंतीक प्रत्येकी पंचवीस हजार रूपयांची अर्थीक मजत भेटयली.

फुडें उलयताना राज्यपालान लोकांक गांवच्या विकासाचेर लक्ष केंद्रीत करपाचो उलो मारून गांव स्वयंपूर्ण जालें जाल्यार पुराय गोंयचो विकास जावपाक मदत जातली अशें सांगलें. खरी जीण गांवांनी पळोवक मेळटा. गांवांतले लोक कश्ट करपी, समाजाप्रती बांधिलकी आशिल्ले आनी उत्साही आसात, अशें तांणी सांगलें.

गोंय हे एक सोबीत आनी फामाद पर्यटन स्थळ आसून गोंयांक दर्या देगेसयत इतिहासीक वास्तूकला, देवळां, चर्ची आनी सांस्कृतीक वारसो लाभिल्लो आसा, अशें तांणी सांगलें.

ह्या वेळार थळाव्या प्रतिनिधीनी राज्यपालांक आपल्या गांवच्या विकासाची म्हायती दितना साबार समस्यांची म्हायती दिली.

कला आना संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी राज्यपालान गांवांत भेट दिवन थळाव्या प्रतिनिधीकडेन संवाद साधून गांवच्या विकासा बाबतीत जाणून घेतिल्ले खातीर आनी फोंडे म्हालातल्या डायलिसीस दुयेंतींक अर्थीक मजत भेटयिल्ले खातीर राज्यपालांचे उपकार मानले.

सुरवातीक राज्यपालान खांडोळाच्या श्री गणेश मंदीर, माशेलातल्या देवकीकृष्ण मंदीराक भेट दिली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/289

.

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji